# कारखाने आनी बाश्पक संचालनालयाची ऑनलायन सेवा

पणजी, ४ सप्टेंबर २०१८
भाद्रपद १३,१९४०

गोंय सरकाराच्या कारखाने आनी बाश्पक संचालनालयान सकयल्या सेवां खातीर ऑनलायन सेवा सुरू केल्या. संचालनालयाच्या सेवांचो लाव ई-डिस्ट्रीक्ट पोर्टल http://goaonline.gov.in वयल्यान घेवपाक मेळता. १९४८ त कारखानो कायद्या खाला कारखान्याच्या (नवे/ अस्तित्वांत) आशिल्ल्या आराखड्याच्या मान्यताये खातीर अर्ज, कारखान्याची नोंदणी आनी परवानगी खातीर अर्ज, कारखान्याच्या परवानो सुधारणे खातीर अर्ज, कारखान्याच्या परवान्याचे नुतनीकरण अर्ज, तशेंच १९२३ बाश्पक कायद्या खाला बाश्पक नोंदणी अर्ज आनी बाश्पक उपेगा खातीर प्रमाणपत्र जारी करपाचे अर्ज उपलब्ध आसात.